Wakv 140

अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्रालयान आयज वक्फ (दुरुस्ती) विधेयक, 2025 संबंधित मिथकांचो खुलासो केला .वक्फ कायदो, 1995 सुरू जावचे पयलीं आनी वक्फ कायदो, 1995 खाला वक्फ म्हणून नोंदणीकृत जाल्ली खंयचीच मालमत्ता रद्द करची ना अशें तातूंत म्हणलां. एकदां मालमत्तेक वक्फ जाहीर केल्या उपरांत ती कायमची तशीच उरची अशें तातूंत म्हळां. ह्या विधेयकांत फकत बरे वेवस्थापन आनी पारदर्शकताये खातीर नेम स्पश्ट केल्यात. वक्फ मंडळांत बिगर मुसलमानांचो आस्पाव जातलो, पूण तांकां भोवमत तयार करूक मेळचें ना अशेंय मंत्रालयान स्पश्ट केलां. तशेंच खंयचीच वैयक्तीक जमीन संपादित करुक मेळची ना आनी हें विधेयक फकत वक्फ जाहीर केल्ल्या मालमत्तेक लागू जाता हाचेर भर दिलो. फकत स्वेच्छेनूच आनी कायदेशीर रितीन वक्फ म्हणून समर्पीत केल्ली मालमत्ता नव्या नेमांत आस्पावता. हे विधेयक जिल्हाधिकाऱ्यांच्या दर्जाच्या अधिकाऱ्याक सरकारी मालमत्ता चुकीच्या पद्धतीन वक्फ म्हणून वर्गीकृत केली गेल्या काय हाचे पुनरावलोकन आणि पडताळणी करपाचो अधिकार दिता पुन , ते कायदेशीररित्या घोषित वक्फ मालमत्ता जप्त करपाचो अधिकार दिना

श्रीलंका 290

श्रीलंकेचे राष्ट्राध्यक्ष अनुरा कुमारा दिसनायके हांच्या निमंत्रणावेल्यान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी तीन दिसांच्या दौऱ्या खातीर कोलंबो पावले. प्रधानमंत्री मोदी हांचे आगमन जाल्या उपरांत, बंदरनायक आंतरराष्ट्रीय विमानतळार परराष्ट्र मंत्री विजिथा हेरथ आणि भलायकी मंत्री डॉ. नलिंडा जयतिसा हांच्यासयत श्रीलंकेच्या सरकारच्या खुपशा मंत्र्यांनी तांचे स्वागत केले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज कोलंबोंत श्रीलंकेचे राष्ट्राध्यक्ष अनुरा कुमार दीसानायके हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी केली. संरक्षण आनी उर्जा ह्या सारक्या वेगवेगळ्या क्षेत्रांत दोनूय फुडाऱ्यांच्या हाजिरेंत कितलेशेच कबलाती जाल्यो.

संयुक्त पत्रकार परिशदेंत उलयताना प्रधानमंत्री मोदी हांणी राष्ट्राध्यक्ष दिसनायके हाणी पयलेच खेपे परराश्ट्रीय भेटी खातीर भारताची निवड केली अशें सांगले आनी दोनूय राश्ट्रां मदल्या खोल आनी खाशेल्या संबंदाचें हें प्रतिबिंब आसा अशें म्हणले.भारताच्या शेजारी पयली धोरण आनी मिशन सेक्युरिटी अँड ग्रोथ फॉर ऑल इन द रिजन (सागर) हातूंत श्रीलंकेक म्हत्वाची सुवात आसा अशें तांणी सांगलें. तशेंच फुडाऱ्यांनी बऱ्याच काळासावन चलत आयिल्ल्या नुस्तेकारांच्या प्रस्नाचेर चर्चा करून मानवतावादी पद्दत आपणावपाची मान्यताय दिली. ताब्यांत घेतिल्ल्या

नुस्तेमारांक बेगोबेग सुटका करपाची आनी तांचीं बोटीं परत करपाची गरज आसा हाचेर मोदी हांणी भर दिलो

आशावाद उक्तायतना मोदी हाणी  सांगलें की श्रीलंकेक  परतून प्रगतीच्या मार्गाचेर पळोवन आपूण खोशी आसा आनी भारतान श्रीलंकेक खरो शेजारी म्हूण सातत्यान आदार दिला, मागीर तो 2019 वर्साचे आतंकवादी हल्ले आसूं, कोवीड-19 महामारी आसूं वा हालींच जाल्ले अर्थीक संकश्ट आसूं, ताका साथ दिलयचो ताचो अभिमान आसा.

श्रीलंकेचे अध्यक्ष अनुरा कुमार डिसानायके हांणी प्रधानमंत्री मोदीच्या "सबका साथ, सबका विकास" दृष्टिकोनाचे कौतुक केले आणि ते वेळार आनी प्रासंगीक अशें म्हणलें. भारताची सतत इश्टागत आनी आदार तांणी मान्य केलो आनी बौध्द धर्म हो भारतान श्रीलंकेक दिल्लो सगळ्यांत मोलादीक भेट अशें म्हणले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांकां श्रीलंकेचे  अध्यक्ष अनुरा कुमार दिस्नानायके कडल्यान मित्र विभूषण पुरस्कार भेटयलो . हो आपलो संमान न्हय तर 140 कोटी भारतीयांचो संमान अशें मोदी हांणी म्हणले. . श्रीलंका आनी भारतांतल्या लोकां मदले इतिहासीक संबंद आनी खोल इश्टागत हातूंतल्यान दिसून येता अशें तांणी सांगलें.

बिमस्टेक 150

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी बिमस्टेकात संस्था आणि क्षमता बांधणी खातीर भारताच्या नेतृत्वाखाला खुपशा उपक्रमांची घोषणा केली. बॅनककात  जाल्या सव्या बिमस्टेक शिखर परिषदेत सहभागी जातासताना, मोदी यांनी भारतात आपत्ती व्यवस्थापन, शाश्वत दर्या येरादारी, पारंपारिक वखदा आणि कृषी संशोधन आणि प्रशिक्षण या विषयांर बिमस्टेक उत्कृष्टता केंद्रा स्थापन करतले अशे सांगले. त्यांनी तरणांट्यांक कुशळताये खातीर एक नवीन कार्यक्रम - बोधी [मानव संसाधन मुळाव्या सुविधांच्या संघटित विकासाक बिमस्टेक] ची घोषणा केली ज्या अंतर्गत व्यावसायिक, विद्यार्थी, संशोधक, राजनयिक आणि हेरांक प्रशिक्षण आणि शिष्यवृत्ती प्रदान करतले. त्यांनी डिजिटल भौशिक मुळाव्या सुविधांमदी प्रादेशिक गरजांचे मूल्यांकन करपाक भारताकडच्यान एक पायलट अभ्यास आणि या प्रदेशात कर्करोगाच्या जतनायेक क्षमता बांधणी कार्यक्रमाची ऑफर लेगीत दिली. अधिकाधिक प्रादेशिक आर्थिक एकात्मतेचे आवाहन करत, प्रधानमंत्रयानी बिमस्टेक चेंबर ऑफ कॉमर्स स्थापन करपाची आणि भारतात दरवर्सा बिमस्टेक व्यवसाय शिखर परिषद आयोजित करपाची ऑफर दिली.

स्पोर्ट्स 60

ब्राझीलांतल्या फोझ दो इगुआसु हांगा आयज जाल्ल्या बॉक्सिंग वर्ल्ड कप 2025 च्या फायनलींत पावपी हितेश हो पयलो भारतीय मुष्टियुध्दपटू थारलो. ताणें दादल्यांच्या 70 किलो विभागांत फ्रांसाचो मकान त्राओरे हाका 5-0 असो हरायलो . मजगतीं, 50 किलो वजनाच्या वर्गांत जदुमणि सिंग, 60 किलो वजनाच्या विभागांत सचिन सिवाच, 90 किलो वजनाच्या विभागांत विशाल अशा हेर भारतीय मुष्टियुध्द खेळगड्यांक दरेकीं कांस्य पदकां मेळ्ळीं.

वेदर 40

हवामान खात्यान फुडले 4 ते 5 दीस वायव्य भारतांतल्या कांय वाठारांनी उश्णतायेची ल्हारां पातळावपाचो अदमास काडला. फुडल्या 2 दिसांत हिमाचल प्रदेशांत कांय सुवातींनी आनी ह्या म्हयन्याचे 9 तारखे मेरेन दिल्ली, हरियाणा, राजस्थान, अस्तंत उत्तर प्रदेश, पंजाब आनी गुजरात हांगा उश्णताय ल्हार पातळावपाची शक्यताय आसा.